# रानां हक्क दावे निकालात काडपा खातीर दक्षीण गोंयांत शिबीराचें आयोजन

ता. 13 जून 2025

रानां हक्क कायदो 2006 च्या तजवीजे खाला केल्ले प्रलंबीत दावे फास्टट्रॅक पद्दतीन निकालात काडपा खातीर दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालयान “प्रकल्प अधिकार” खाला आयज 14 जून 2025 दिसा काणकोण, धारबांदोडा, केपे, सांगे आनी फोंडे तालुक्यात तालुका पांवड्याचेर शिबीरां आयोजीत केल्यात.

उपजिल्हाधिकारी कार्यालय, गट विकास अधिकारी, जोड मामलेदार, ग्रामपंचायत सचीव, आदिवासी कल्याण संचालनालय आनी रानां खात्याच्या समन्वयान ही शिबीरां आयोजीत केल्यात.

रानां हक्क दावे प्रलंबीत आशिल्ल्या दावेदारांनी आदिवासी दाखलो, स्वताचो जाहिरनामो, फॉर्म-ए, जाण्ट्या व्यक्तिचे निवेदन वा 13 डिसेंबर 2005 पयली सावन जमनीत लागवड करीत आशिल्ल्यचो पुरावो आनी हेर आवश्यक दाखल्यांसयत शिबीराक हजर रावचे. काणकोणा सरकारी हायर सेकंडरी स्कुल, चावडी, धारबांदोड्या उपजिल्हाधिकारी कार्यालय, धारबांदोडा, सांग्यार नगरपालिका सभाघर, केपे पंचायत सभाघर, बार्शे आनी फोंड्या उपजिल्हाधिकारी कार्यालयांत शिबीर जातले.

तशेंच सुपुर्द केल्ले दावे निकालात काडपा खातीर संबंदीत गावांनी शेनवार 21 जून 2025 दिसा विशेश ग्रामसभांचे आयोजन करपात येतले. राज्य सरकारान सगळें प्रलंबीत रान हक्क दावे 19 डिसेंबर 2025 मेरेन निकालात काडपाचे थारायला. रान हक्क दावेदारांनी कसलीय मजत जाय आसल्यार संबंदीत रानां हक्क समिती वा जोड मामलेदार-1 च्या कार्यालयात संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/535

--

-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.